**जिल्हा पंचायत पोटवेंचणूक  मतदारसंघात सोरो विक्री आनी येरादारीचेर निर्बंध**

ता. 11 ऑक्टोबर 2022

उत्तर गोंयांतल्या रेईश मागूश आनी दक्षीण गोंयांतल्या दवर्ली आनी कुठ्ठाळी जिल्हापंचायत मतदारसंघाखातीर पोटवेंचणूक जावपाची आशिल्ल्यान वेंचणूक जावपी जिल्हापंचायत मतदारसंघातली  सगळीं परवानाधारक सोरो विक्रीची बारां आनी दुकानां मतदान आनी मतमेजणीच्या फाटभूंयेर ता. 15, 16 आनी 18 ऑक्टोबर 2022 दिसा  बंद दवरपाचे निर्देश सरकारान दिल्यात. ह्या दिसांनी बार आनी रेस्टोरंट आशिल्ल्या आस्थापनांक फकत खावपाचे जिन्नस विकपाक मेळटले आनी तशीं सुचोवणी दिवपी बोर्ड लावचे पडटले.

तशेंच वयल्या काळांत संबंदीत जिल्हापंचायत मतदारसंघ क्षेत्रांत सोरो येरादारी वा लागी बाळगुपाकय निर्बंध लागू केल्लो आसून खंयचीय व्यक्ती आपल्या कुटुंबातल्या वांगड्या सयत बियर सोडून भारतीय बनावटीच्या विदेशी सोऱ्याची वा विदेशी सोऱ्याची पाऊण बाटली आनी 650 एमएलच्यो स बियरीच्यो बाटल्यो आनी देशी सोऱ्याची पाऊण बाटली एका जाग्यावयल्यान दुसऱ्या जाग्यार व्हरपाक शकतली वा आपल्या लागी बाळगुपाक शकतली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/628

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji